आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :27/04/2026 प्रादेशिक खबरो 7.20 pm

मुखेल खबरो

आता पुराय खबरो

शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांक आवडी प्रमाण योग्य शिक्षणीक दिका दाखोवपा खातीर मार्गदर्शकाची भुमिका निभावची, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केला .

CERT-In एमपॅनल्ड ऑडिटिंग संस्थांची वर्सुकीं परिशद, 'संवाद 2026', आयज सावन बिट्स पिलानीच्या कॅम्पसात सुरू जाली.

गोंयच्या विद्यार्थ्यां मदीं विज्ञान, तंत्रज्ञान, अभियांत्रिकी आनी गणित (STEM) विशयांत आवड निर्माण करपाक खातीर'संवसारीक STEM आनी रोबोटिक्स ऑलिंपियाड (WSRO) 2026 – आयोजीत केलां.

बायलांच्या फुडारपणा खाला उद्देजकतेक चालना दिवपा खातीर गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन फाल्यां सांखळीच्या नवेली पंचायत हॉलांत 'महा कर्ज मेला' घडोवन हाडटा.

उच्च माध्यमिक शाळांच्या प्रॉस्पॅक्टसाच्या दरांत वाड केल्ल्यान शिक्षण संचालनालयान खर हुस्को उत्तायला

गणेश

शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांक आवडी प्रमाण योग्य शिक्षणीक दिका दाखोवपा खातीर मार्गदर्शकाची भुमिका निभावची, अशें आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केला. गोंय शालांत मंडळान आयतारा धावेचो निकाल जाहीर केलो. हाचे उपरान इकरावी प्रवेश प्रक्रियेचे फाटभुंयेर तांणी हें विधान केलें.

धावी पास जाल्ल्या सगळ्या विद्यार्थ्यांक मुखेलमंत्र्यांनी परबीं भेटयलीं. सांगें, केपें, धारबांदोडा, काणकोण, पेडणें ह्या म्हालातल्या विद्यार्थ्यांनी शारांतल्या विद्यार्थ्यां परस बरी कामगिरी केल्या. ११वेच्या वर्गाची प्रवेश प्रक्रिया आयज सोमार सावन सुरू जाली. विद्यार्थ्यांनी कला, विज्ञान, वाणिज्य सारक्या पारंपारीक फांट्यां वांगडाच वेवसायीक अभ्यासक्रम, आयटीआय वा डिप्लोमा सारक्या

पर्यायांचो  विचार करचो.  पालकांनी आनी शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांच्या फुडाराचो विचार करून तांचे कडेन चर्चा करची.

फकत आंकडो वाडोवपा खातीर विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिवचो न्हय असो सल्लो मुखेलमंत्र्यांनी शिक्षकांक  दिलो.

Dip

CERT-In एमपॅनल्ड ऑडिटिंग संस्थांची तीन दिसांची वर्सुकीं  परिशद, 'संवाद 2026', आयज बिट्स पिलानीच्या के.के. बिर्ला  कॅम्पसात  सुरू जाली. ही परिशद 29 एप्रिल मेरेन चलतली. ह्या परिशदेत भारत आनी  हेर देशांतले 500 परसचड प्रतिनिधी वाटेकर जाल्यात. “फ्युचर
रेडी ऑडिट वरवीं डिजिटल भारताक सुरक्षित करप:अनुकूलीत, खात्री, प्रगती” ह्या संकल्पनेचेर आदारीत ह्या परिशदेचो उद्देश, सहकार्य, नावीन्य आनी दूरदर्शी ऑडिट कार्यपद्धतीच्या माध्यमातल्यान भारताची सायबर सुरक्षा यंत्रणां मजबूत करप हो आसा.    ह्या वेळार उपस्थितांक मार्गदर्शन करतना  मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, की,  गोंयची पयली ‘सन, सॅण्ड आनी  सी’ ह्या खातीर वळख आसली पुण  आता गोंय सायबर सुरक्षेचे केंद्र म्हण मुखार सारता
. देश आनी जगभरातले प्रतिनिधी फकत गोंयच्या सैमा खातीरच न्हय जाल्यार डिजिटल फुडार सुरक्षित करपाक म्हत्वाच्या विशयांचेर चर्चा करपाक जमिल्लें आसात.

जान

गोंयच्या विद्यार्थ्यां मदीं विज्ञान, तंत्रज्ञान, अभियांत्रिकी आनी गणित (STEM) विशयांत आवड निर्माण करपाक आनी तांकां अणभवात्मक शिकपाची संद मेळोवपा खातीर

'संवसारीक STEM आनी रोबोटिक्स ऑलिंपियाड (WSRO) 2026 – आयोजीत केलां.  गोवा राज्य पांवडयार ही सर्त 28 जूनाक जातली. गोवा राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान म्हळयार जी. एस. सी. ई. आर. टी.न राज्यांतल्या सगळया मुळाव्या, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांक तातूंत वांटो घेवपाचें आवाहन केलां. ह्या ऑलिंपियाडा खाला वेगवेगळया ८ ते १६ वर्सां पिराय गटां खातीर वेगवेगळीं सर्ती घडोवन हाडल्यांत..ह्या सर्तीखातीर  विद्यार्थ्यांक तयार करपा खातीर आयोजकांनी गोंयभर फुकट ऑनलायन आनी ऑफलायन प्रशिक्षण सत्रां घडोवन हाडटले.

गणेश

बांदकाम खात्यात कामगार सोसायटी खाला आशिल्ल्या कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक सेवेत कायम करपाच्या मागणे खातीर  सोसायटीचे कर्मचारी कामगार दिसा १ मेक आझाद मैदानाचेर धरणें धरतले, अशी म्हायती  इन्टकचे अध्यक्ष अजय प्रभुगांवकार हांणी दिल्या.

कामगार सोसायटीच्या कर्मचाऱ्यांनी पणजे आल्तिनोर  बांदकाम खात्याच्या प्रधान मुखेल अभियंत्याक निवेदन भेटयलें. हाचे उपरान ताणी ही म्हायती दिली.

प्रधान मुखेल अभियंत्याक कामगारांनी निवेदन भेटयलां. हाची प्रत भौशीक बांदकाम मंत्र्याक दितले, अशी म्हायती अजय प्रभुगांवकार हांणी दिली.

सुशांत
वास्कोंत हांगा सेंट फ्रांसिस झेवियराचेर टिका करपी भाशण बरोवपाचो आरोप आशिल्ल्या गौतम खट्टराचो भाव माधव खट्टर हाका आयज गुन्यांव फांटो पुलिसांनी वास्को पयल्या वर्गाच्या न्यायालयांत हाजीर केलो. न्यायालयान ताका 14 दीसांची न्यायालयीन कोठी फर्मायली.

मजगतीं, माधव खट्टर हाणे ह्या प्रकरणांत जामीन अर्ज केला आनी हो अर्ज फाल्यां 28 एप्रीलाक वास्को न्यायालयांत सुनावणेक येतलो. माधव खट्टर हो मुखेल दुबावीत गौतम खट्टराचो भाव आसून ताका रायवाला-हरिद्वारांतल्यान गोंय पुलिसांनी ताका ताब्यांत घेतिल्लो. ह्या प्रकरणांत गोंय पुलिसांनी ताका सह-आरोपी केला.

इतले मजगती, कुडचडे लैंगिक अत्याचार प्रक़रणात अटक केल्ल्या सोहम नायक ह्या दुबावितान पाचव्या गुन्याव प्रक़रणात आपल्याक अटकपूर्व जामीन मेळचो असो मडगावच्या सत्र न्यायालयामुखार अर्ज केल्लो तो अर्ज आयज ताणे फाटी घेतलो.

महेश

गोंयांत बायलांच्या फुडारपणा खाला उद्देजकतेक चालना दिवपा खातीर गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन फाल्यां सांखळीच्या नवेली पंचायत हॉलांत आप मजत गटांतल्या उद्देजकांखातीर ‘महा कर्ज मेला’ घडोवन हाडटा. ही कार्यावळ सकाळीं 10 ते दनपारां 2 मेरेन जातली.

भागीदार बँको आनी वित्तीय संस्थांच्या सहकार्यान सुरभि MCLF सहकारी बहुउद्देशीय संस्थवरवी हि कार्यावळ  आयोजीत केल्ल्या. ह्या कार्यावळींत रिणाची बेगीन प्रक्रिया आनी एकाच छताखाला दस्तावेजीकरणा खातीर जायती मदत मेळटली. आप मजत गटांतल्या उद्देजकांक अर्थीक मदतीची

उपलब्धता सोंपी करप, ग्रामीण उपजीविका घटमूट करप आनी राज्यभरांतल्या बायलांच्या फुडारपणा खाला उद्देगांक आदार दिवप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा.

100

उच्च माध्यमिक शाळांच्या प्रॉस्पॅक्टसाच्या दरांत वाड केल्ल्यान शिक्षण संचालनालयान खर हुस्को उक्तायला. शाळेची माहिती पुस्तीका चडान चड १०० रुपया वा छपाई किंमत जी उणी आसा ती निश्चित करची अशें शिक्षण संचालकान मांगलां. प्रवेश फॉर्मा वांगडा दिल्ल्या प्रॉस्पॅक्टसा खातीर राज्यांतल्या कांय शाळांनी पालकांकडल्यान चड शुल्क घेतात अशी कागाळ शिक्षण संचालनालयाक मेळ्ळयात. हाची गंभीरतायेन दखल घेवन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी आयज म्हत्वाचें परिपत्रक जारी करून सगल्या सरकारी आनी अनुदानीत शाळांक ही सुचोवणी दिल्या.

गणेश

वादग्रस्त ३९ ए  विरोधांतल्या आंदोलना मजगतीं नगरनियोजनमंत्री  विश्वजीत राणे हांच्या घरा भायर निदर्शनां केल्ल्या प्रकरणांत विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांका पणजी पुलिसानी समन्स जारी केले. हे समन्साक लागून विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाणी सांजे पणजी  पोलिशीन हाजेरी लायली. पोलिसांनी तांची चवकशी केली. गोंयांत कांय दिसां फाटीं नगरनियोजन खात्यांतल्या ३९ ए  कलमा आड व्हड आंदोलन जाल्लें. आमदार वीरेश बोरकार हांणी हें आंदोलन सुरू केल्लें.  आंदोलकांनी मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या मिरामारच्या घरा कडेन मोर्चो व्हेल्लो. हातूंत लोक व्हडा संख्येन वाटेकार जाल्ले. ह्या प्रकरणांत पुलिसांनी युरी आलेमाव आनी हेरां आड गुन्यांव नोंद केल्लो. हे गुन्यावाच्या चवकशे खातीर पोलिसांनी युरी आलेमाव हांका समन्स जारी केल्ले.

खेळ  १५

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर दिल्ली कॅपिटल्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स पंग्दमदि खेळ जातलो.

हवामान 50

राज्यांतल्या काय वाठारानी आयज आनी फाल्या गडगड मारून पावस पद्पाचो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला.

खात्यान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान। 35 .3 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे।२८.4

अंश सेल्सिअस नों द जाला.  मुरगांवांत चडांत चड।35.2 अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे। 28 अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या.

Ek kalovni

आकाशवाणी पणजी-
आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.

उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांक  आवडी प्रमाण योग्य शिक्षणीक दिका दाखोवपा खातीर मार्गदर्शकाची भुमिका निभावची, अशें आवाहन मुखेलमंत्री  डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केला .

CERT-In एमपॅनल्ड ऑडिटिंग संस्थांची वर्सुकीं परिशद, 'संवाद 2026', आयज सावन बिट्स पिलानीच्या  कॅम्पसात  सुरू जाली.

गोंयच्या विद्यार्थ्यां मदीं विज्ञान, तंत्रज्ञान, अभियांत्रिकी आनी गणित (STEM) विशयांत आवड निर्माण करपाक खातीर'संवसारीक STEM आनी रोबोटिक्स ऑलिंपियाड (WSRO) 2026 – आयोजीत केलां.

बायलांच्या फुडारपणा खाला उद्देजकतेक चालना दिवपा खातीर गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशन फाल्यां सांखळीच्या नवेली पंचायत हॉलांत 'महा कर्ज मेला' घडोवन हाडटा.

उच्च माध्यमिक शाळांच्या प्रॉस्पॅक्टसाच्या दरांत वाड केल्ल्यान शिक्षण संचालनालयान खर हुस्को उक्तायला

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर.